राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो २१.१०२०२५ @ 7.25 am

दिवाळी 50

देशभरात काल  पारंपारिक तरेन उत्साह आणि उमेदीन दिवाळी मनयली . बऱ्याचो वाईटाचेर विजय दर्शवपी ही परब घरां, देवळां  आनी हेर भौशिक सुवातानी रोषणाय करून मनयली . यानिमित्त लोकानी  संपत्तीची देवी लक्ष्मीचीय पूजा केली. काय जाण आज लक्ष्मी पूजन करतले   .

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी दिवाळी निमित्त उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना दिल्यो

राज्यपाल 65

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दिवाळीच्या सणाची गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं दित्ना म्हणला कि दिवाळी सण उजवाडान काळखाचेर, ज्ञानान अज्ञानाचेर आनी सद्गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. गोंया सारख्या विविधताय आनी गतीशील राज्यांत दिवाळीच्या सणानिमतान सगळ्यां समाजांमदी भावपण आनी शांतीकायेची भावना दिसून येता. सगळ्यां लोकांक समाजाखातीर सकारात्मक योगदान दिवपाचे  आनी गोंय आनी राष्ट्राखातीर पर्जळीत, आनी शाश्वत फुडार निर्माण करपा खातीर एकवटान काम करपाचो उलो तानी मारला.

CM 70

गोंयचे मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी समेस्त गोंयकारांक दिवाळेची परबी भेटयली . दिवाळी हो उत्साहपूर्ण सण, जो उजवाडान काळखाचेर आनी सद्गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. दिवाळीचो उत्सव समाजात शांतीकाय, भावपण आनी जातीय सलोखो वाडोवपाक लोकांक उर्बा दिता आमी

राज्याच्या कोनशा-कोनशाक गिज्ञानाचो उजवाड पसरावया. “आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय” चे उद्दीश्ट पुराय करपा खातीर लोकांनी थळावीं उत्पादनां खरेदी करपाक प्राधान्य दिवचे आनी राज्याच्या उदरगतीक हातभार लावचो अशें मुख्यमंत्री म्हणले   byte

मोडी 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिवाळेची परब मनोव्पाक  गोंय आनी कारवार दर्यादेगांचेर आशिल्ल्या आय एन एस विक्रांताक भेट दिली आनी नौदळांच्या जवानावांगडा दिवाळी मनयली. नौदळाच्या जवानांक प्रधानमंत्र्यांनी मिठाय भरयली आनी भारतीय जवानांच्या अदभूत शौर्याची तोखणाय केली. ऑपरेशन सिंदूर वेळार तिनुय संरक्षण दलांमधल्या असाधारण समन्वयान पाकिस्तानाक शरणागती पत्कराची पडली अशे प्रधन मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला  byte सिंदूर

आता हेर देश भारता कद्च्यान शस्त्रा खरेदी करपाक सोदता अशे तानी सांगले

असरानी 90

ज्येष्ठ हिंदी चित्रपट अभिनेते  गोवर्धन असरानी, ज्यांका मोगान असरानी म्हणून वळख तात तांका वयाच्या ८४ व्या वर्सा दीर्घ दुयेसान मरण आयले.  दनपारा ४ च्या सुमाराक ताणी  निमणो  श्वास घेतलो. शोले फिल्मातल्या जेलरच्या भूमिके खातीर फामाद आशिल्ले असरानी हाणी  चुपके चुपके, भूल भुलैया, धमाल आणि बंटी और बबली २ सारख्या हिट चित्रपटांतुय काम केले. मूळ राजस्थान जयपूरचे रहिवासी असरानी यांनी भारतीय चित्रपटसृष्टीत उल्लेखनीय प्रवास सुरू करपा आदी त्यांच्या गावात सेंट झेवियर्स स्कूलत शिक्षण घेतले. पाच दसकांपरस चड काळाच्या कारकिर्दीसयत असरानी यांचे हिंदी चित्रपटसृष्टीत - विशेषतः विनोदी शैलीत  योगदान भरपुर आणि सखोल आशिल्ले

**Sports** 40

भारताची 16 वर्साचे  तन्वी शर्मा हाणे जागतिक जुनियर बेडमिटन सरतीत रूपया पदक मेळयले. साईना नेहवाल आणि अपर्णा पोपट हांचे फाटल्यान पदक पटकावपी भारतचे हे तिसरे खेळगडे

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात आज गडगड आणि विजे सयत  हल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला